# <u>राज्यपालाकडल्यान ईद-उल- फित्रची परबीं</u>

ता. 13 मे 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. भगतसिंह कोश्यारी हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून मुस्लिम समाजाक ईद-उल-फित्र सणाची हुनहुनीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, " ईद-उल-फित्र परबेन रमजान हो उपासाचो पवित्र म्हयनो सोपता. रमजान म्हळ्यार न्हय फकत उपास करप जाल्यार वायट विचार , उतरां आनी कृतीपासून पयस रावपाचो म्हयनो आसा. महम्मद पैगम्बरान मानव जातीक मोग, शांतीकाय, भावपण आनी दया ह्या इश्वरी मुल्यांची शिकवण दिल्या. आयच्या ह्या संकटाच्या संवसारात आमी राष्ट्रीय अखंडता आनी सामाजीक सलोख्याच्या हिताखातीर ह्या उदात्त तत्वांचे आचरण करूया.

ह्या वर्सा आमी ह्या शुभ प्रसंगार खुशालकाय मनयतना भलायकी शिश्टाचार आनी मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवया आनी सुरक्षीत रावया. ईद-उल-फित्र सण सगळ्यांच्या जीणेत शांतीकाय, समृध्दी आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ ऑप/ विगां/ 2021/478

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa